## अंतीम निर्णया उपरांत म्हायती लोकांमेरेन पावपाक जाय- न्या. जोशी

ता. 12 ऑक्टोबर 2021

सरकारी अधिकाऱ्यांनी एक लक्षांत घेवपाची गरज आसा, की खंयच्याय विशयाचेर एकदा अंतीम निर्णय जालो की कांयच गुपीत उरना, कारण तो निर्णय लोकांमेरेन पावता, अशें लोकायुक्त निवृत्त न्यायाधिश श्री. अंबादास जोशी हांणी सांगलें. म्हायती हक्क दिसानिमतान गोंय राज्य म्हायती आयोग आनी गोंय लोक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्थेन ओल्ड गोवा हांगा म्हायती हक्क कायद्याच्या कलम 4 खाला म्हायती दिवपाच्या विशयाचेर आयोजीत परिशदेत ते उलयतालें.

न्या. जोशी हांणी फुडें सांगलें, सरकारी अधिकाऱ्यांनी म्हायती दिवपाची मानसिकता दवरपाक जाय. गुप्तताय बाळगुपाचे निमित्त करून म्हायती नाकारपाची सवय जाल्ली आसा. संबंदीत अधिकारी हो प्रत्येक निर्णयाची म्हायती दिवपाक बांदिल आसा. आनी ते खातीर प्रत्येक बाबतीत पारदर्शकता राखपाखातीर म्हायती दिवपाची प्रक्रिया सतत चालू उरपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

राज्य मुख्य म्हायती आयुक्त एड. विश्वास सतरकर हांणी आपल्या उलोवपात प्रशासनात पारदर्शकता हांडपाखातीर म्हायती हक्क कायदो म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगून सरकारी खात्यांनी नेमान आपली वेबसायट अपडेट करपाक जाय, जेणे करून म्हायती इलेक्ट्रॉनिक माध्यमातल्यान लोकांक पळोवक मेळटली, अशें सांगलें.

राज्य म्हायती आयुक्त श्री. संजय ढवळीकर हांणी आपल्या उलोवपात म्हायती आयोगामुखार आयिल्ल्या प्रकरणांचेर बेगीनात बेगीन निर्णय दिवपाचे काम जाता आनी फाटल्या तीन म्हयन्यासावन आरटीआय दावे निकालात काडपाचे प्रमाण वाडिल्ले आसा, अशें सांगलें.

म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. रवी धवन हांणी सरकारी खात्यांनी म्हायती हक्क कायद्याच्या कलम 4 खाला म्हायती दिवपा खातीर डिजिटल माध्यमांचो वापर करपाक सांगलें.

परिशदेच्या उक्तावण कार्यक्रमा उपरांत सचिवालय प्रशिक्षण आनी वेवस्थापन संस्थेचे सचीव श्री. वदाली रामबाबू हांणी म्हायती हक्क कायद्याच्या कलम 4 चेर व्याख्यान दिले.

गोंय राज्य म्हायती आयोगाचे सचीव श्री. विनेश आर्लेकर हांणी येवकाराचे उलवप केले.

श्री. प्रदीप नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. जीपार्डाचे संचालक श्री. मायकल डिसौझा हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/852

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji